**मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं सचिवालय इमारतीच्या पाख्याचेर उबारिल्ल्या सौर ऊर्जा प्रकल्पाचें उक्तावण**

ता. 16 जून 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरी सचिवालय इमारतीच्या पाख्याचेर गोंय उर्जा विकास यंत्रणेन उबारिल्ल्या 40 किलो व्हटस् सौर ऊर्जा प्रकल्पाचे वीजमंत्री श्री. रामकृष्ण ढवळीकर हांचे उपस्थितीत उक्तावण केले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान गोंयांत वेगवेगळ्या इमारतींचेर 12 रूफटॉप सोलर पॉवर उबारून यशस्वीपणान कार्यान्वित केल्ले खातीर ग्रीड यंत्रणेचे अभिनंदन केले आनी अपारंपरिक उर्जा साधनांचो वापर करपाचेर भर दिवपाची गरज उक्तायली. ज्या राज्यांनी वीज तयार जाता त्या राज्यांतल्या लोकांक आयज अखंडीत वीज पुरवण जायना, पुण वीजे खातीर दुसऱ्यां राज्यांचेर निंबून आशिल्ल्या गोंय राज्यांतल्या वीज गिरायकांक सुरळीत वीज पुरवण जाता, हे गोंयच्या लोकांनी लक्षात घेवपाक जाय. गोंय सरकारान पारंपारिक उर्जा तंत्रज्ञानाखातीर झांबियाच्या सरकारावांगडा समजीकाय कबलात केल्या, अशें्य तांणी सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान गोंय विद्यापिठ वांठारांत उबारिल्ल्या उर्जा प्रकल्पाचो उल्लेख करून संबंदीत यंत्रणांनी विंगड विंगड क्षेत्रांत नवीन तंत्रज्ञानाचो वापर करपाचेर भर दिवपाची गरज उक्तायली. गोंयांक तंत्रज्ञानाच्या मळार पयल्या नंबराचे राज्य करपा खातीर आमी सगळ्यांनी एकवटान प्रयत्न करपाचीय गरज तांणी व्यक्त केली.

वीजमंत्री श्री. रामकृष्ण ढवळीकर हांणी राज्यांत चालू आशिल्ल्या विंगड विंगड वीज प्रकल्पांची म्हायती दितना स्मार्ट सिटी प्रकल्प उबारून वीजेची बचत करपात येतली. सुरवातीक असो प्रकल्प पणजी शारांत सूरू करपाची येवजण आसा. राज्यांतल्या पाच सरकारी म्हाविद्यालयांच्या इमारतींचेर सोलर प्रकल्प उबारपाचे काम चालू आसा, अशें्य तांणी सांगलें.

ह्या वेळार वीज सचीव श्री. वाय. व्ही. राजशेखर, उर्जा विकास यंत्रणेचे संचालक आलेक्स डिकॉस्ता आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/420

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji